Panaji National 8th June 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल आपत्ती प्रतिरोधक घटमूट करपा खातीर जागतीक प्राधान्यक्रमांची रूपरेषा मांडली.

भारत आनी ब्रिटन हांचे मदीं हालींच जाल्ली मुक्त वेपार करार आनी दोट्टी योगदान कबलात हो एक वाटचिरो आशिल्ल्याचे परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हळां.

उत्तर रेल्वेन कटरा आनी श्रीनगर हांचेमदीं वंदे भारत रेल्वेची व्यावसायिक ऑपरेशनस सुरू केल्या.

कर्नाटका सरकारान बेंगळुरूच्या चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर जाल्ल्या चेंगराचेंगरीत मरण आयिल्ल्याच्या कुटुंबांक भरपायेची रक्कम वाडोवन दरेकीं 25 लाख रुपया इतली केल्या.

फ्रेंच ओपन टेनिस २०२५ च्या, बायलांच्या एकोड्या गटांत, अमेरिकन टेनिस स्टार कोको गॉफ हाणें दुसरो ग्रॅण्ड स्लॅम खिताब जिखलो. डिफेंडिंग चॅम्पियन कार्लोस आल्काराझ आयज जनिक सिनर आड खेळटलो.

PM CDRI – 135

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल आपत्ती प्रतिरोधक घटमूट करपा खातीर जागतीक प्राधान्यक्रमांची रूपरेषा मांडली, तातूंत नाविन्यपूर्ण वित्तपुरवण आनी पूर्वसूचना प्रणाली आनी समन्वय घटमूट करप हांचो आस्पाव आसा. आपत्ती प्रतिरोधक मुळावी बांदावळ आंतरराष्ट्रीय परिशद, सीडीआरआय 2025त व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं उलोवप करतना मोदी हांणी विकासात लवचिकतेची गरज अधोरेखित करून, काळ आणि वेळ हांच्या कसोटीत टिकपी मुळावी बांदावळ उभारपाचे आवाहन केले. सैमीक आपत्ती आनी हवामान बदलाक लागून दर्यादेगेवेले वाठार आनी जुंवे हांची असुरक्षितता तांणी अधोरेखित केली.

भारताचेर कोसळिल्ल्या विनाशकारी आपत्तींच्या अनुभवांचे स्मरण करून दित प्रधानमंत्र्यांनी, भारतान आप्पतीतल्यान कसो मार्ग काडलो आनी पुनर्बांधणी केली

हाजेर भर दिलो. 29 देशांक फायदो जावपी सुनामी शिटकावणी पद्दत स्थापन करपाक भारतान योगदान दिलें अशे तांणी सांगले.

तांणी 25 ल्हान जुंव्यांच्या विकसनशील देशा बरोबर लवचीक घरां, हॉस्पिटलां, शाळा, उर्जा प्रणाली, उदका सुरक्षा उपाय आनी पूर्वसूचना प्रणाली बांदपा खातीर सीडीआरआयचे चालू आशिल्ले काम अधोरेखित केलें.

PM David Lammy – 100

ब्रिटनचे परराष्ट्र मंत्री डेविड लैमी हाणी काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेतली. मोदी हांणी दोनूय देशां मडल्या वाढत्या संबंधांचे स्वागत केले आनी भारत-ब्रिटन व्यापक धोरणात्मक भागीदारी घटमूट जाल्ल्यान समाधान उक्तायलें.

परराश्ट्र मंत्री डेव्हिड लॅमी हांणी वेपार आनी गुंतवणूक, संरक्षण आनी सुरक्षा, तंत्रगिन्यान, नवनिर्माण आनी निवळ उर्जा ह्या सारक्या मुखेल वाठारांनी सहकार्य वाडोवपाक ब्रिटनाची उत्सुकता व्यक्त केली. मुक्त वेपार कराराक लागून दोनूय देशांक नवी अर्थीक संद मेळटली असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

दोनूय फुडाऱ्यांनी प्रादेशिक आनी जागतीक मुद्द्यांचेर चर्चा केली. लॅमी हाणी पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचो खर निशेध केलो आनी सीमापार आतंकवादाच्या आड भारताच्या झुजाक तेंको दिलो.

Jaishankar – 85

भारत आनी ब्रिटन हांचे मदीं हालींच जाल्ली मुक्त वेपार करार आनी दोट्टी योगदान कबलात हो एक वाटचिरो आशिल्ल्याचे परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी काल म्हळां. नवी दिल्लींत ब्रिटनचे परराश्ट्र मंत्री डेव्हिड लॅमी हांचे कडेनबरोबर जाल्ले बसकेंत तांणी सांगलें, हे कबलाती वरवीं दोनूय देशां मदल्या परस्पर वेपार आनी गुंतवणूकेक गती मेळटलीच पूण परस्पर संबंदांचेर आनी हेर म्हत्वाच्या पैलूचेरूय सकारात्मक परिणाम जातलो. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचो खर निशेध केल्ल्या खातीर आनी आतंकवादाच्या आड झुजात भारताक आदार दिल्ल्या खातीर डॉ जयशंकर हांणी ब्रिटन सरकाराचे उपकार मानले.

J&K Vande bharat – 50

उत्तर रेल्वेन कटरा आनी श्रीनगर हांचेमदीं वंदे भारत रेल्वेची व्यावसायिक ऑपरेशनस सुरू केल्या. 6 जुनाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी कटरा सावन पांचवो बावटो दाखयल्ली वंदे भारत एक्सप्रेस गाडी, काश्मीराक रेल्वे वरवीं देशाच्या हेर वाठारां कडेन जोडटा. कटरा सावन बारामूला आनी परत वचपी प्रवाशांनी वंदे भारत रेल्वे सेवा सुरू जाल्ल्यान खोशी उक्तायल्या.

Karnataka – 60

कर्नाटकाचे मुख्यमंत्री सिद्दारमैया हांणी बुधवारा बेंगळुरूच्या चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर जाल्ल्या चेंगराचेंगरीत मरण आयिल्ल्या 11 जाणांच्या कुटुंबांक भरपायेची रक्कम वाडोवन दरेकीं 25 लाख रुपया इतली केल्या. हाचे आदीं सरकारान दर कुटुंबाक 10 लाख रुपया भरपाय दिवपाची घोशणा केल्ली. केंद्रीय व्हड आनी जड उद्देग मंत्री एच.डी. कुमारस्वामी, केंद्रीय राज्यमंत्री शोभा करंडलाजे आनी कर्नाटक भाजपा फुडाऱ्यांनी मरण आयिल्ल्या कुटुंबांक 50 लाख रुपया लुकसाण भरपाय दिवपाची मागणी केल्या.

MAHA - WATER CRISIS - 80

न्हंय जोडणी प्रकल्प आनी गांव पातळेचेर उदक संवर्धन यत्न करून राज्य उदका संकश्टाचेर येसस्वीपणान मात करतलें अशें महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी सांगलां. न्हंय जोडणी प्रकल्प, भूजल पुनर्भरण आणि गांव पातळेचेर संवर्धन यत्न करून राज्यांतलें उदकाचें संकश्ट सोडोवपा खातीर एक महत्वाकांक्षी येवजण आखल्या अशें तांणी सांगलें. ते काल नागपूरांत तीन दिसांच्या विदर्भ उदका परिशदेचें उक्तावण वेळार उलयताले. फडणवीस हाणी २०,००० वयर गांवांचें रुपांतर केल्ल्या बलिराज येवजणेच्या यशाचेर भर दिलो आनी जलसंवर्धनाखातीर नागरिकांकडल्यान ७०० कोटी रुपय ऐकताय करपाचे श्रेय जलयुक्त शिवर चळवळीक दिले.

SHAH-NAXAL OP OFFICERS - 115

गृहमंत्री अमित शाह हाणी हालींच नवी दिल्लींत नक्सल विरोधी कारवायांनी मुखेल भुमिका साकारपी अधिकाऱ्यांची भेट घेतली आनी तांच्या इतिहासीक यशा खातीर तांकां परबीं दिली. भारताक नक्सलवादाच्या संकटापासून मुक्त करपाक सरकार कटिबद्ध आसा अशे शाह हाणी सोशल मिडियाचेर केलल्या पोस्टांत

म्हळां. बेगीनूच छत्तीसगडाक भेट दिवन ह्यो कारवाय यशस्वी केल्ल्या सैनिकांक मेळटले अशें शाह हाणी सांगलें. छत्तीसगडांत सुरक्षा दळ नक्सल विरोधी कारवाय करतात अशी म्हायती आमच्या प्रतिनिधींन दिल्या. ह्या यत्नांचो एक भाग म्हणून, मे म्हयन्यांत 18 ते 21 मेरेन अबूझमदच्या भितरल्या वाठारांनी छत्तीसगढ पुलिसांनी कारवाय केली. 21 मे दिसा बोटेर गांवच्या रानांनी जाल्ल्या चकमकीत सीपीआय (माओवादी)चो सरचिटणीस आनी पोलिट ब्युरोचो वांगडी बसवराजू उर्फ गगन्ना सयत 27 नक्षलवाद्यांक मारले आनी तेच बरोबर व्हड प्रमाणांत शस्त्रां आनी दारुगुळो जप्त केलो.

Amit Shah Madurai – 120

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह काल रातीं तमिळनाडूंतल्या मदुराय शारांत पावले. आयज मदुरायांत तमिळनाडू भाजपाचे राज्य कोर कमिटीच्या बसकेचे अध्यक्षपद ते करतले आनी पक्षाच्या राज्य, जिल्लो आनी मंडळ पांवड्यावेल्या पदाधिकाऱ्यां कडेनय ते उलयतले. शाह इतिहासीक मीनाक्षी अम्मन देवळाकय भेट दितले. शाह वेंचणुकेचे तयारे विशीं पक्ष फुडाऱ्यांक आनी पदाधिकारींक संबोधीत करतले, आनी वेगवेगळ्या भागधारकां कडेनय बसका घेतले. शाह हांची ही भेट पक्षाच्या कार्यकर्त्यां खातीर मनोबल वाडोवपी थारतली अशें भाजपाचे प्रदेश उपाध्यक्ष नारायण तिरुपठी हांणी सांगलें.

उपरांत सांजवेळार शाह ओठाकदाईत वेलामल ग्लोबल हॉस्पिटल मैदानाचेर वचून पक्षाचे व्हडले बसकेत उलोवप करतले. ह्या मेळाव्यांत तमिळनाडूंतल्या राज्य, जिल्लो, आनी मंडळ पांवड्यावेले भाजपाचे कार्यकर्ते आसतले.

11 एप्रील 2025 ह्या दिसा शाह हाणी तमिळनाडू भेटे वेळार भाजपा आनी एआयएडीएमके हांचे मदि परत युती करपाची घोशणा केलली.